# सामुदायिक जनावरांआड क्रूरताय न करपाचो सल्लो

ता. 30 जून 2025

जनावरांआड क्रूरताय प्रतिबंद जिल्हा सोसायटीन (उत्तर गोंय) लोकांक दयाळूपणाचो समाज निर्माण करपाचो उलो मारला, ज्या समाजात जनावरांक दया आनी आदराची वागणूक मेळटली.

संस्था जनावरांआड जावपी क्रूरतायेक प्रतिबंद घालपा खातीर काम करता. जनावरांआड क्रूरताय थांबोवपाचो आनी जनावरांची काळजी घेवप्यांक कोणेय पिडचे न्हय म्हूण कायद्याअंतर्गत हस्तक्षेप करपाचो अधिकार संस्थेक आसा. भारतीय संविधानाच्या कलम 51A(g) आनी जनावरां जल्म नियंत्रण (ABC) नियम, 2023 प्रमाण सगळें निवासी, बांधकाम वेवसायिक, सोसायटी संघटना, पंचायत आनी नगरपालिकांनी सामुदायिक जनावरांची काळजी घेवप आवश्यक आसा.

सामुदायिक जनावरांक दया दाखोवप, तांची काळजी घेवप, तांकां जेवण घालप म्हत्वाचे आसा, जेणे करून अशी जनावरां मनशांमदी इश्टागतीन जगपाक शकतली. जनावरांची काळजी घेवप्यांक कायद्यान संरक्षण मेळटा. सामुदायिक जनावरांच्या कृतीं वा आगळीके खातीर जेवण घालप्याक जापसालदार धरचे ना कारण जनावर तांणी पाळील्ले नासता.

सामुदायिक जनावरांक दुखापत करप, अपंग करप, मारप वा विख घालप हो दंडात्मक गुन्याव आसा आनी 5 वर्सां मेरेन कैद वा दंड वा दोनीय ख्यास्त जावपाक शकता.

चड म्हायती खातीर वा जनावरांआडच्या क्रूरतायेच्या कसल्याय घडणूकेची कागाळ करपा खातीर spcagoa.north@gmail.com . ईमेल करचो वा 7972436891 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/565

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.